REGIONAL 24/05/2025 @ 7.25 AM

गणेश /महेश 180

आयफेल टॉवराय पासत प्रेरणा घेवन गोयात नव्या जुवारी पुलाचेर उबारपी ऑब्जर्वेटरी टॉवराच्या बुनियादी फातर बसोवपाच्या कार्यावळीत केंद्रीय रस्ते आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी बुन्याद घाली. हेवेळार उलयतान ताणी सांगलें की झुवारी पुलावेल्या ट्वीन टॉवराचे स्वरूप आयफेल टॉवराभशेन आसतले आनी तो पाच वर्सांत पुराय जातलो. गोंयांत महामार्ग प्रकल्पां खातीर ₹33,000 कोटी रुपयांची वाटप केला, जे राज्याच्या वर्सुकी अर्थसंकल्पा परस चड आसा अशें गडकरी हांणी म्हणले Byte

हे कार्यावळीक मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, केंद्रीय उर्जा राज्य मंत्री श्रीपाद नायक, खासदार सदानंद शेट तानावडे, येरादारी मंत्री मॉवीन गुदिन्हो आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. 270 कोटींच्या ह्या प्रकल्पात घोळटे रेस्टॉरंट, आर्ट गॅलरी, विविंग डेक्स आनी हेर सुविधा आसतल्यो. हाचो गोयच्या पर्यटनाक लाव जातलो. 460 कोटींचो दाबोळी विमानतळ रस्तो प्रकल्प जुलय 2026 मेरेन पुराय जातलो बहुप्रतिक्षित मुंबय-गोंय म्हामार्ग जूनाच्या निमाणे मेरेन पुराय जातलो आनी 3-4 म्हयन्यांनी ताचे काम सुरू जातले, फोंडा ते भोमा रस्त्याची निविदा तयार जाल्या, अशें केंद्रीय मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगलें. पेडणे ते काणकोण मेरेन वॉटर टॅक्सी सुरू करपाचो प्रस्ताव आसा, अशें हे वेळार मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

हवामान 100

फुडल्या 2 दिसांत केरळांत मान्सून येवपा खातीर परिस्थिती अनुकूल जावपाची शक्यताय आसा आणि नैऋत्येक दीकेन वचपाक परिस्थिती अनुकूल आसपाची शक्यताय आसा.

दक्षिण अरबी दर्याच्या कांय भागांत  मालदीव आनी लक्षद्वीप, केरळ, कर्नाटक आनी तमिळनाडूचो एक वाठार बंगालची दक्षिण आनी मध्य खाडी, बंगालची उत्तर खाडी आनी ह्या काळांत ईशान्य राज्यांतले कांय वाठार तशेच दक्षिण कोंकण दर्यादेगेर उदेंत मध्य अरबी दर्याचेर उण्या दाब वाठार त्याच वाठारांत उरलां. फुडल्या २४ वरांत तो चडसो उत्तरेकडेन वचून कमी दाबाचे प्रमाण वाढण्याची शक्यताय आसा. उत्तर आनी दक्षिण गोंयात जायत्या सुवातींनी दडकानी पावस पडपाची शक्यताय आसा. तशेच वारे वराक 50-60 किमी ते 70 किमी.वेगान व्हावतले आणि राजयाक रेड आणि ऑरेंज अलर्ट जारी केला अशे वेधशाळेन म्हणला.

महेश 90

सध्याच्या गंभीर हवामान परिस्थितीत, राज्य आपत्ती व्यवस्थापन प्राधिकरण परिस्थितीचेर लक्ष दवरपाक आणि मदत पुरवण करपाक उत्तर आणि दक्षिण गोव्यात २४x७ नियंत्रण कक्षां सयत सक्रिय आसा. ह्या खातीर: नागरीकांक विनवणी आसा की कृपा करून . 2 3 ते 25 या काळात घरातच रावात आणि अनावश्यक प्रवास टाळा. तुमची सुरक्षितता ही सर्वोच्च प्राथमिकता आसा. माहिती दवरा. सुरक्षित रावात. आपत्कालीन परिस्थिती खातीर तुमच्या लागीच्या नियंत्रण कक्षा कडे संपर्क साधा. अशे राज्य आपती निवारण आनी प्रतिसाद खात्यान आवाहन केला. खात्यान आणीबाणीच्या काळात मजत मेळपाक तालुका पातळेचेर फोन नंबर दिल्यात ते तांच्या संकेत थळार उपलब्ध आसात

निरज 70

2025 वर्साच्या पोलंडांतल्या चोर्झोवांत जाल्ले जानुस कुसोसिनस्की मेमोरियल सर्तींत भारताचो स्टार भालाफेकपटू नीरज चोपडान रुप्या पदक मेळयलां. दोन फावटीं ऑलिंपिक पदक जिखपी ह्या खेळगड्यान आपल्या सव्या आनी निमाण्या यत्नांत आव्हानात्मक परिस्थितींत 84.14 मीटर भालाफेक नोंद केली . २०२१ उपरांतचो हो ताचो सलग २२ वो  टॉप-टू फेरीत समावेश आसा. जर्मनीचो ज्युलियन वेबर हाणें 86.12 मीटर भालाफेक करत भांगरा पदक जिखलें जाल्यार ग्रेनेडाचो अँडरसन पीटर्स हाणें 83.24 मीटर भालाफेक करत तिसरो क्रमांक मेळयलो.

क्रिकेट 30

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं लखनौच्या एकाना क्रिकेट स्टेडियमांत सनरायझर्स हैदराबादान रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरूक 42 धांवड्यांनी हारयले. जैता खातीर 232 धांवड्यचो फाटलाग करपी रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू 19.5 षटकांत 189 धांवड्यो करून ऑल आउट जाले

RBI 95

भारतीय रिझर्व्ह बॅँकेच्या संचालक मंडळान 2024-25 वित्तीय वर्सा केंद्र सरकाराक 2.68 लाख कोटी रुपया परस चड अतिरिक्त निधी हस्तांतरित करपाक मान्यताय दिल्या. मुंबयंत आरबीआयचे गव्हर्नर संजय मल्होत्रा हांच्या अध्यक्षतेखाला जाल्ले मंडळ बसकेंत हो निर्णय घेतला.